11th May 2025 सकाळी –7.25

राज्यपाल पी .एस श्रीधरन -

राज्यपाल पी .एस श्रीधरन पिल्लय हांणी काल पणजे दोनापावला राजभवनाचेर, सगळ्या धर्मांचो एकजुट आनी एकचार दाखोवपाच्या हेतान, खासा बसकेचे आयोजन केल्ले. ह्यावेळार हींदु, मुस्लीम, सिख, ख्रिश्चन धर्माचे धर्मगुरू हाजीर आशील्ले. भारत हो एकचारान शांतीकायेन रावपी देश. देशात तणावाचे वातावरण आसतना, ही एकी अशीच कायम तिगोवन दवरप, ही जण एका नागरीकाची जवाबदारी, अशे मत ह्यावेळार राज्यपाल श्रीधरन पिल्लय हांणी व्यक्त केला. जाल्यार भारत पाकीस्तानाचे तणावाच्या परीस्थीतीन, देशातलो एकचार तिगोवन दवरपाच्या हेतान अशी पद्धतीची सर्वधर्म समभावाची बसका आयोजीत करपी, गोंयचे राज्यपाल हे पयले राज्यपाल जांवन आसा, अशे मत ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला.

भाडेकरुंची नोंदणी -

गोंयांत येवपी गुन्यांवकार चुकीची म्हायती दिवन हांगा रावतात. हाची दखल घेवन पुलीस अधीक्षकांच्या अहवाला प्रमाण, दक्षीण गोंय जिल्लोधिकाऱ्यान बिराडकार आनी हॉटेलांनी आनी हेर आस्थापनांनी रावपी लोकांची वळखपत्रां घेवन पुलिसांक म्हायती दिवची. हॉटेल आस्थापनांनी ही म्हायती पथिक सॉफ्टवेअरांत घालची, अशी सुचाेवणी जारी केल्या. भाडेकरुंची नोंदणी करनाशिल्ल्या आड गुन्यांव नोंद करपाचो आदेश जिल्लोधिकाऱ्यान, उपजिल्लोधिकारी आनी दंडाधिकाऱ्यांक दिलां. दक्षीण गोंय जिल्लोधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी राज्या भायल्यान येवपी भोंवडेकारांचे वाडट्या प्रवृत्ती विशीं हुस्को उक्तायला. ते खातीर कोणाकूय रावपाक दवरतना वळखपत्रां आनी हेर म्हायती घेवपाचे निर्देश, जिल्लोधिकाऱ्यान दिल्यात.

इतले मजगती, दक्षीण गोंय जिल्ह्यांत आशिल्ल्या राष्ट्रीय बँकांक एटीएमाचेर, सतत सुरक्षा दवरपाचो निर्देश जिल्लोधिकाऱ्यान दिलां. एटीएमच्या सुरक्षे खातीर अतिरिक्त सुरक्षा रक्षक तैनात करप आनी सीसीटीव्ही तशेंच पॅनीक बटणां सयत, इलॅक्ट्रॉनीक सर्व्हे सिस्टिम लावप गरजेचें, अशें जिल्होधिकाऱ्यांनी आपल्या आदेशांत म्हळां.

## योग आनी वेलनेस -

संवसारीक पर्यटनांत योग आनी वेलनेस ह्या दोन मळाचे म्हत्व वाडला. आदरातिथ्याबरोबरच पर्यटकांक आता स्वत:च्या भलायकेचोय फायदो करुन घेवपाचो आसता. ह्याखातीर गोंयच्या पर्यटनांतय योग आनी वेलनेस ह्या दोनूय गजालींक प्राधान्य दितले, असे गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचे उप महाव्यवस्थापक दीपक नार्वेकार हांणी सांगलें.

आंतरराष्ट्रीय योग दिसानिमतान, शंबर दिसांची उरफाटी मोजणी सुरू जाल्ली आसून, ताच्या 42व्या दिसा काल, दक्षिण गोंयांतल्या केळशी ह्या दर्यावेळेर, योग महोत्सव घडोवन हाडिल्लो. भारतीय हॉटेल आनी रेस्टॉरंट असोसिएशन फेडरेशन, केंद्र सरकारचे आयुश मंत्रालय आनी मोरारजी देसाय नॅशनल योग असोसिएशन हांणी जोड पालवान आयोजीत केल्ल्या ह्या महोत्सवांत, 350 परस चड योग मोगींनी वांटो घेतिल्लो. ह्या वेळार ह्या संस्थेचे राष्ट्रीय सहाय्यक सरचिटणीस पायल स्वामी, गोवा कॉलेज ऑफ नेचरोपथीच्यो मुखेल कार्यकारी अधिकारी डॉ. स्नेहा भागवत, हेल्दी प्रायव्हेट लिमिटेडचे अध्यक्ष डॉ. मिकी मेहता तसेच मास्टर योग ट्रेनरचे कार्यकारी संचालक डॉ.जॉय परेरा हे हाजीर आशिल्ले.

## घुवळी वखदा

आराडी वाठारात घुवळी वखदाच्या वेव्हरात, घुसपिल्लया एका 23 वर्सा पिरायेच्या आनी स्टुडंट विसाचेंर आयिल्लया नायजेरियनाक, गोंय पुलिशेन अटक केल्या. ताचेकडल्यान 1 कोटी 68 लाख रुपयाची घुवळी वखदा, पुलिशेन जप्त केल्यात, अशी म्हायती क्रायम ब्रांचीचे पुलिस अधिक्षक राहुल गुप्ता हांणी दिल्या. क्रायम ब्रांचान 59 कोटी रुपयाची घुवळी वखदा, नव्या वर्साच्या सुरवेकुच म्हणल्यार साडेचार म्हयन्यात जप्त केल्यात, अशीय म्हायती ह्यावेळार गुप्ता हांणी दिल्या. हेर देशातले नागरीक चडश्या वेळार, अशा वेव्हारात घुसपिल्ले जायत्या वेळार नदरेक आयिल्याची म्हायती तांणी दिल्या. गोंयकारांनी सादुर रावुन जर घुवळी वखदांचो वेव्हार नदरेक येत, जाल्यार वा दुबाव येत जाल्यार, थेट संपर्क करचो. म्हायती दिवप्याची ओळख गुप्त दवरतले, अशे आवाहन राहुल गुप्ता हांणी केल्या.

गोवा राज्य जैव विविधताय

जैव विविधताये विशी वेगवेगळयो अभ्यासात्मक कार्यावळी आंखपा संदर्भात, गोंय विद्यापीठान, गोवा राज्य जैव विविधताय मंडळाकडेन एका  समजिकायेच्या कबलातीचेर सय केल्यात. ह्या समजिकायेच्या कबलातीप्रमाण गोंय विद्यापीठ, गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळाक जैवविविधतायेविशी  प्रशिक्षण कार्यावळी, परिसंवाद, जागृताय मोहीम, रॅली, पथनाट्य आनी हेर कार्यावळी आंखपाक आनी सादर करपाक  मदत करतलें. गोंय विद्यापीठाच्या शिक्षकांक आनी विद्यार्थ्यांक जैव विविधतायेच्या मळार, प्रायोगीक संशोधन करपाक लेगीत ह्या समजिकायेच्या कबलातीप्रमाण मदत जातली. गोंय विद्यापीठाचे  कुल सचिव आनी राज्य जैव विविधताय मंडळाचे वांगडी सचिव डॉ. प्रदीप सरमोकादम हांणी ह्या कबलातीचेर, सयो केल्यात.

हवामान 65

नैऋत्य मान्सून 27 मे दिसा, केरळ दर्यादिगेर पावपाची शक्यताय आसा. दरव्हर्सा 1 जून दिसा नैऋत्य मान्सून केरळात पावता. अंदु तो पांच दीस आदीं केरळात पावपाचो आसा, अशे भारतीय हवामान खात्यान जाहीर केलां.  हाकालागून खरीफ पेरणी हंगामाचेर सकारात्मक परिणाम जातलो, असो अदमास आसा.

मजगती, गोंयांत पणजेचें तापमान चडांत चड 35.2 अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान 26.7 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां.